25th August 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, आयज दिल्लींत फिजीचे प्रधानमंत्री सिति-वेनी राबुका हांचेकडेन चर्चा करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन, दोन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर वतले. अहमदाबादांत 5 हजार 400 कोटी रुपयांच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं जातले.
- रशियेंतल्या भारताचे राजदूतान सांगलां, कि भारताक सगळ्यांत उण्या दरात मेळटा, थंयच्यान तेल विकतें घेवप, चालू दवरतलो. आनी राष्ट्रहिताखातीर पावला उबारतलो.
- २०४७ मेरेन, संवसारांतल्या पयल्या पांच खेळां राश्ट्रां मदीं आसपाचे, भारताचे लक्ष्य आसा, अशें खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी सांगलां.
- कॅनडातल्या विनि-पेगात जाल्ल्या, संवसारीक युवा तिरंदाजी वस्दादपण सर्तीच्या, १८ वर्सा पिराय सकयल्ल्या वैयक्तिक रि-कर्व्ह सर्तीत, भारताच्या शर्वरी सोमनाथ शिंदे हिणे भांगरापदक जोडले.

पीएम फिजी - 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, तांचे फिजीचे समकक्ष सिति-वेनी राबुका कडेन आयज दिल्लींत उलोवणी करतले. प्रधानमंत्री मोदी भेटीदार मानेस्तांच्या सन्मानार्थ, जेवणाची कार्यावळ आयोजीत करतले. राबुका काल भारताच्या, तीन दिसांच्या भोंवडेर नवी दिल्लीत पावले. तांकां शिक्षण राज्यमंत्री डॉ सुकांत मजुमदार हांणी, विमानतळार येवकार दिलो. ताचे वांगडा तांची घरकान्न, सुलुएती रबुका आसात. ह्या शिश्टमंडळांत भलायकी आनी वैजकी सेवा मंत्री रातु आटो-नियो लाला-बालावु आनी वरिश्ठ अधिकारी हांचो आस्पाव आसा. केंद्रीय मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी काल सांजे त्यांची भेट घेतली. प्रधानमंत्री रबुका हांची ही पयली भारत भेट

आसा. फिजीचे प्रधानमंत्री आयज सांजे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांका भेट दितले. भारत-फिजी संबंद हे परस्पर आदर, सहकार आनी घटमूट संस्कृतीक संबंदांचेर आदारिल्ले आसात. फिजीच्या प्रधानमंत्र्यांची ही भेट, भारत आनी फिजी हांचे मदल्या बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ल्या संबंदांचेर भर दिता. सगळ्या क्षेत्रांतल्यान द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची, दोनूय देशांची वचनबद्धताय आसा. वर्सां भितर फिजीचे मुखेल उदरगत भागीदार म्हूण, भारतान फिजीक मुखेल क्षेत्रांनी आनी क्षमता निर्माण करपाच्या मळार, राष्ट्र उबारणेच्या यत्नांत, आदार दिला. शेतकी, शिक्षण, भलायकी, आयटी, एमएसएमई, नितळ उर्जा आनी मानवतावादी मजत तशेच आपत्ती मदत, ह्या सारक्या मळार भारतान फिजिक मजत केल्या.

पीएम गुजरात - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन, दोन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर वतले. प्रधानमंत्री मोदी आयज सांजे, अहमदाबादांत 5 हजार 400 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करपाचे आसात. प्रधानमंत्री ह्या निमतान, भौशीक सुवाळ्यांतय संबोधन करतले. प्रधानमंत्री मोदी आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा फाल्यां सकाळीं, अहमदाबादच्या हंसलपूर हांगा शंबर देशांक संकरीत बॅटरी इलॅक्ट्रॉड आनी फ्लॅग ऑफ बॅटरी इलेक्ट्रीक वाहन निर्यात करपाचें, थळाव्या उत्पादनाचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री 1 हजार 400 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे, जायते रेल्वे प्रकल्प, राष्ट्राक समर्पित करतले. विरामगाम-खुदाद-रामपुरा रस्त्याच्या रुंदीकरणाचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं जातलें. तशेंच अहमदाबाद-मेहसाना-पालनपूर रस्त्याचेर स लेन वाहनांचो अंडरपास, आनी अहमदाबाद-विराम-गम रस्त्याचेर रेल्वे ओव्हरब्रिज बांदपाचो, प्रधानमंत्री मोदी बुन्याद फातर घालतले.

भारत रशिया - 120

भारताक सगळ्यांत बरे दर मेळटा, थंयच्यान आमी तेल विकतें घेतलें आनी आपलें राश्ट्रहित राखपा खातीर उपाय येवजण आखतले, अशें रशियेंतले भारताचे राजदूत, विनय कुमार हांणी सांगलां. रशियन खबरां एजन्सीक दिल्ले मुलाखतींत, विनय कुमार हांणी सांगलें, नवी दिल्लीन रशियन तेल खरेदी केल्ल्यान, भारतीय आयातीचेर वट्ट 50 टक्क्यांनी शुल्क वाडोवपाचो अमेरिकेचो निर्णय अन्यायकारक, अवास्तव आनी अयोग्य आसा. भारताच्या उर्जा धोरणांत, आपल्या नागरिकांक विस्वासांत घेवपा सारकी पुरवण सुरक्षीत दवरपाचो हेत आसा. रशिया आनी हेर देशां कडेन केल्ल्या सहकार्याक लागून, संवसारीक तेल बाजारांत स्थिरताय निर्माण जाल्या, हांचेर तांणी भर दिलो. भारत-रशिया वेपार परस्पर हितसंबंद हो, बाजारपेठेच्या घटकांक लागून चलता अशेंय, कुमार हांणी सांगलें. अमेरिका आनी युरोपीय राश्ट्रां सयत, हेर देशांचेय रशियेकडेन वेपार चालू आसात, हे तांणी नदरेक हाडलें.

मांडवीय - 70

देशाच्या स्वातंत्र्याच्या शताब्दी वर्सा मेरेन, २०४७ मेरेन भारत संवसारांतल्या पयल्या पांच खेळां राश्ट्रां मदीं आसपाची आस्त आसा, अशें खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी सांगलां. अहमदाबादांत जाल्ल्या, राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग सर्तीच्या, उक्तावण सुवाळ्यांत उलोवप करतना मंत्री मांडविया हांणी सांगलें, कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान, खेळां क्षेत्रांत उडी मारून उदरगत केल्या आनी ह्या वाठारांत जायत्यो सुदारणा केल्यात. फुडल्या धा वर्सांत देशाक, संवसारांतल्या पयल्या 10 क्रमांकांत व्हरपाचे ध्येय प्रधानमंत्र्यानी दवरला, अशेंय अशें मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी सांगलां.

डीआरडीओ - 60

संरक्षण संशोधन आनी उदरगत संघटणेन, काल ओडिशाच्या दर्यादेगेर, एकत्रीत हवाई संरक्षण शस्त्र प्रणालीची, पयली उड्डाण चांचणी येसस्वीपणान पुराय केली. IAD-WS ही एक बहुस्तरीय हवाई संरक्षण प्रणाली आसून, तातूंत सगळ्यो देशी क्विक रिएक्शन सरफेस टू एअर मिसाईल, प्रगत खूप अल्प अंतराचे हवाई संरक्षण प्रणाली क्षेपणास्त्रां आनी उच्च शक्तीची लेसर आदारीत दिग्दर्शीत ऊर्जा शस्त्र, हांचो आस्पाव जाता.

बुलंदशाहर अपघात -

उत्तर प्रदेशांत काल रातीं उसरां, बुलंदशहरांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग 34चेर जाल्ल्या रस्तो अपघातांत, दोन बायलां आनी एक भुरग्या सयत, उण्यांत उणे आठ जाणांक मरण आयलें आनी 45 जाण जखमी जाले. घटल गांव लागसार ही घडणूक घडली. जेन्ना एका कंटेनरान भक्तांनी भरिल्ल्या ट्रॅक्टराक धपको दिलो. गोगाजीचे भक्त, युपीच्या कास-गंजांतल्यान राजस्थानाच्या गोगा-मेडीक वचपाचे आशिल्ले. अलीगढ शिमेचेर राती अडीच वरांचे सुमाराक, हो अपघात जालो अशें बुलंदशहराचे एसएसपी दिनेश कुमार सिंग हांणी सांगलें. कासगंज जिल्हयांतल्यान सुमार 60-61 लोक, ट्रॅक्टरांतल्यान वताले. जखमींक खुर्जा हांगाच्या, हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. तीगा जाणांची स्थिती गंभीर आसा. अपघात जाल्लो ट्रक, पुलिसांच्या ताब्यांत आसा.

रशिया युक्रेन कैद - 80

संयुक्त अरब अमीरातीच्या मध्यस्थी उपरांत, काल रशिया आनी युक्रेन हांणी दरेक वटेनच्यान, आनीक 146 कैद्यांचे दिवप - घेवप केल्ल्याची म्हायती, रशियन संरक्षण मंत्रालयान दिल्या. मुक्त जाल्ले सगळे रशियन, बेलारूसांत आशिल्ले आनी तांकां मानसीक आनी वैजकी मदत, दिली. युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष वोलोडीमिर झेलेन्स्की हाणें, परतून आयिल्ल्या लोकांचे फोटो पोस्ट करून सांगलें, तातूंतले चडशे 2022 वर्सा सावन बंदखणींत आशिल्ले, अशे सांगला. ताणें सांगलें, कि आक्रमणा उपरांत म्हयनोभर बंदखणींत घेतिल्लो, पत्रकार लेगीत तांचे मदीं आशिल्लो. हाचेर देखरेख दवरपा खातीर, संयुक्त अरब अमीरातीचे, झेलेन्स्की हांणी उपकार मानले.

तिरंदाजी – ६०

कॅनडातल्या विनिपेगात जाल्ल्या, संवसारीक युवा तिरंदाजी वस्दादपण सर्तीच्या, १८ वर्सा पिराय सकयल्ल्या वैयक्तिक रि-कर्व्ह सर्तीत भारताच्या शर्वरी सोमनाथ शिंदे हिणे भांगरापदक मेळयले. रोमांचक निमण्या फेरीयेत तीणे दक्षिण कोरियाच्या, किम येवोनाक ६ आड ५ अशें हारयले. हे सर्तीत भांगरापदक मेळोवपी शर्वरी शिंदे ही दुसरी भारतीय बायल खेळगडी आसा. ते आदी, चिकिता तनिपार्थीन २१ वर्षां पिराय सकयल्ल्या, वैयक्तिक कंपाउंड सर्तीत वस्तादपण मेळयल्ले.

यूएस ओपन – ५०

यूएस उक्त्या टेनिस सर्तीत, एम्मा रादु-कानुन जपानच्या एना शिबा-हाराक ६ आड १, ६ आड २ अशें हारोवन, पयल्या फेरीयेत जैत मेळयले. २०२१सात

वस्तादपण मेळयल्या उपरांत, एम्माचे यूएस ओपन सर्तीतले हे पयलेच जैत आसा. ह्या हंगामात आता मेरेनच्या तिच्या बेसब-या खेळाक लागून, यूएस ओपन सर्तीत, ती बरो खेळ करतली, अशी आस्त आसा.

हवामान - 70

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस, देशाच्या वायव्य वाठारांनी उटनगराचो पावस पडपाची शक्यताय उक्तावन, orange अलर्ट जारी केल्या. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, ह्या म्हयन्याचे 26 तारखे मेरेन गुजरात, ओडिशा, राजस्थान, आनी उत्तराखंडात एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगड, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, हरियाणा, पंजाब, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीरच्या एकसुरे सुवातेर घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशेय हवामान खात्यान सांगला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, आयज दिल्लींत फिजीचे प्रधानमंत्री सिति-वेनी राबुका हांचेकडेन चर्चा करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन, दोन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर वतले. अहमदाबादांत 5 हजार 400 कोटी रुपयांच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं जातले.
- रशियेंतल्या भारताचे राजदूतान सांगलां, कि भारताक सगळ्यांत उण्या दरात मेळटा, थंयच्यान तेल विकतें घेवप, चालू दवरतलो. आनी राष्ट्रहिताखातीर पावला उबारतलो.
- २०४७ मेरेन, संवसारांतल्या पयल्या पांच खेळां राश्ट्रां मदीं आसपाचे, भारताचे लक्ष्य आसा, अशें खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी सांगलां.

- कॅनडातल्या विनि-पेगात जाल्ल्या, संवसारीक युवा तिरंदाजी वस्दादपण सर्तीच्या, १८ वर्सा पिराय सकयल्ल्या वैयक्तिक रि-कर्व्ह सर्तीत, भारताच्या शर्वरी सोमनाथ शिंदे हिणे भांगरापदक जोडले.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार

--------------